राष्ट्रीय खबरो राजश्री कामत 13.06.2026 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

- विमान अपघातात बळी पडील्याचयो कुडी डीएनए चाचण्यो पुराय जाले उपरांत रोखडयोच कुटुंबियांक दितले
- एअर इंडिया विमान अपघाता विशीं विमान अपघात तपास ब्युरो AAIBन औपचारीक चवकशी सुरू केल्या
- आयसीसी वर्ल्ड कसोटी चॅम्पियनशिप फायनलींत ऑस्ट्रेलियेन दक्षिण आफ्रिकेचेर 218 धांवड्यांनी खेळाचो दुसरो दीस सोंपयलो.
- भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रात व्हड ते धोंगयानी पावस पडपाचो अदमास काडला.

एयर 100

अहमदाबाद विमानतळाच्या मेघानी नगर परिसरात २४२ जणांक घेऊन वचपी एअर इंडियाचे प्रवासी विमान कोसळले. अहमदाबादा सावन लंडनाक वचपी एआय-१७१ या विमान क्रमांकाच्या प्रवाशांमदी १६९ भारतीय, ५३ ब्रिटिश, एक कॅनेडियन आणि ७ पोर्तुगीज नागरिक तर बोटींतल्या हेर 12 लोकां मदीं दोन पायलट आनी 10 क्रयु सदस्य आशिल्ले. दनपारां 1.39 वरांचेर उड्डाण जाले उपरांत थोड्याच वेळान विमानाचो पायलट कॅप्टन सुमित सभरवाल आनी फर्स्ट ऑफिसर क्लाईव्ह कुंदर हाणी संकश्टाचो फोन करून पुराय प्रमाणांत आणीबाणीची शिटकावणी दिली. केंद्रीय जलशक्ती मंत्री सी.आर. पाटील हाणी सांगले की, गुजरातचे आदले मुख्यमंत्री विजय रुपाणी हेय ह्या घडणुकेत सोपले. किरकोळ जखमी जाल्लो फक्त एक व्यक्ती मेळला ताचे नाव विश्वास कुमार रमेश जो ब्रिटिश नागरिक आसा.

मोदी 110

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी अहमदाबादात जाल्या एअर इंडियाच्या विमान अपघाता विशी गृहमंत्री अमित शहा आणि नागरी उड्डाण मंत्री राम मोहन नायडू हांचेकडे संपर्क सादलो. आनी परिस्थितीचो आढावो घेतलो. विमान अपघाता उपरांत बाधितांक बेगोबेग सगळी शक्य

ती मदत मेळची म्हण त्यांनी निर्देश दिले. नायडू हाणी तांका .माहिती दिली की ते घटनास्थळार बचाव आणि मदत कार्याचे निरीक्षण करपाक अहमदाबादाक वता आनी संबंधित संस्था उच्च सतर्क आसात आणि समन्वित प्रयत्न सुरू आसात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मु आनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी खर दुख परगटायला. गृहमंत्री अमित शहा यांनी जाल्या विमान अपघाताबद्दल दुःख व्यक्त केले.

सोशल मीडिया पोस्टात शाह म्हणले की आपत्ती प्रतिसाद दलांक बेगोबेग अपघातस्थळार धाडले. गृहमंत्र्यांन सांगले की त्यांनी गुजरातचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, राज्याचे गृहमंत्री हर्ष संघवी आणि अहमदाबादचे पोलिस आयुक्त हांचेकडे उलोवन परिस्थितीचो आढावा घेतला .

शाह 70

एअर इंडिया विमान आपघतातल्या प्रवाशांच्या नातलगां खातीर आणि एअर इंडियाच्या कर्मचाऱ्यां खातीर अहमदाबादाक दिल्ली आणि मुंबई च्यान प्रत्येकी एक अशी दोन मदत विमाना धाडल्यात. दिल्ली आणि मुंबईच्यान अहमदाबादाक वचपी विमाना रातीच थय पावली

एअर इंडिया विमान अपघातान पुराय देशाक धक्को बसला आणि सरकार मरण आयिल्यांच्या कुटुंबीया वांगडा आसा, अशे गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणला. माध्यमांकडे उलयताना शहा हाणी म्हणले की, डीएनए चाचण्यो रोखडयोच पुराय जातलो, उपरांत मरण आयिल्याचो कुडी कुटुंबियांक दितले

नायडू 65

एअर इंडिया विमान अपघाता विशीं विमान अपघात तपास ब्युरो AAIBन औपचारीक चवकशी सुरू केल्या. आंतरराष्ट्रीय नागरी विमान संघटणेन थारायिल्ल्या आंतरराष्ट्रीय प्रोटोकॉल प्रमाण ही चवकशी करतले अशें नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हांणी सांगलें. ह्या प्रकरणाची सविस्तर चवकशी करपा खातीर सरकार वेगवेगळ्या विशयांतल्या तज्ञांचो आस्पाव आशिल्ली उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन करता अशी म्हायती ताणी दिली. विमानाची सुरक्षीतताय घटमूट करपा खातीर आनी फुडाराक अशीं घडणुको आडावपा खातीर समिती वावुरतली.

गोवा 40

गोंय सरकारान विमान घडणुके विशी खर दुख परगटायला आनी राज्यात एका दिसाचो दुखवटो जाहिर केला. तशेंच सरकारी कार्यावळी, भौशिक सुवाळे, तशेंच हेर कार्यावळी रद्द करून

त्यो फुडे धुकलपाचो निर्णय गोंय सरकारान घेतला.सगळ्या खात्यांचे प्रमुख, सरकारी म्हामंडळ आनी स्वायत्त संस्था हांका आदेशावरवी संबंधित निर्देश दिल्ल्यात.

फेरी 70

नागापट्टिनम आणि कंकेसंथुराई मजगती प्रवासी भारत-श्रीलंका फेरी सेवेक तेको दिवपाक भारत सरकारान आनीक एका वर्सा खातीर आर्थिक मदत दिल्या. श्रीलंके वांगडा प्रादेशिक संपर्क आणि लोकांमदले संबंध घटपुट करपाच्या भारताच्या सततच्या वचनबद्धते प्रमाण हे पावल उबारला. वायबिलिटी गॅप फंडिंग यंत्रणेअंतर्गत ही मदत सुरू उरतली, ज्यातुन दरवर्सा ३०० दशलक्ष श्रीलंकन रुपयांपरस चड  निधी राखून दवरला. हे समर्थन महत्त्वाचे लॉजिस्टिक आणि ऑपरेशनल खर्च भागोवन परवडपी भाडे आणि अखंड सेवा सुनिश्चित करपाक मदत करता

पीक 140

केंद्र सरकारान २०२५-२६ च्या गिमाळी पीक हंगामा खातीर हरियाणा, उत्तर प्रदेश आणि गुजरात या राज्यांत किंमत आधार योजने अंतर्गत एकूण ५४ हजार १६६ मेट्रिक टन मूग खरेदी करपाक मान्यताय दिल्या. कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, सरकारान २०२५-२६ च्या गिमाळी पीक हंगामा खातीर उत्तर प्रदेशात ५० हजार ७५० मेट्रिक टन भुईमूग खरेदी करपाकुय मान्यता दिल्या  बसके वेळार, केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी शेतकऱ्यांच्या हिता खातीर आंध्र प्रदेशात खरेदी चो कालावधी आनीक १५ दिसांनी या महिन्याच्या २६ तारखे मेरेन वाडोवपाक मान्यता दिल्या.. २०२४-२५ च्या खरेदी वर्षा खातीर संबंधित राज्यातल्या उत्पादनाच्या १०० टक्के मेरेन किंमत आधार योजनेअंतर्गत तूर, उडीद आणि मसूर खरेदी करपा कुय सरकारान परवानगी दिल्या. मंत्रालयान मुखार म्हणला की, २०२५ च्या केंद्रीय अर्थसंकल्पात, सरकारान २०२८-२९ मेरेन अतिरिक्त चार वर्सा हो उपक्रम सुरू दवरपाक घोषणा केली , ज्यातुन डाळी उत्पादनात राष्ट्रीय स्वयंपूर्णता प्राप्त करपाच्या उद्देशान या डाळींची खरेदी करतले

टपाल 100

शिक्षणीक, सांस्कृतीक, समाजीक आनी धर्मीक पुस्तकां परवडपी दरांत पावोवपा खातीर टपाल खात्यान 'ज्ञान पोस्ट' ही समर्पीत टपाल सेवा सुरू केल्या. नवे शिक्षण धोरण (एनईपी) च्या उद्दिश्टां प्रमाण हो उपक्रम आसा आनी भारतांतल्या पयसुल्ल्या आनी गांवगिऱ्या वाठारां

सयत छापील शिक्षणीक साहित्य चड सुलभ आनी परवडपी करून शिक्षणीक खर्च उणो करपाचो हाचो हेतू आसा. 'ज्ञान पोस्ट' सगळ्या टपाल खात्यांनी 300 ग्राम मेरेनच्या पॅकेटांक कर सोडून. उण्यांत उणें 20 रुपया आनी 5 किलो मेरेनच्या पॅकेटांक चडांत चड 100 रुपया दर आसा. पारदर्शकता आनी विश्वासार्हता सुनिश्चित करपा खातीर ट्रॅकिंग सुविधा उपलब्ध आसतली. चड म्हायती खातीर गिरायकांनी आपल्या लागींच्या टपाल खात्या कडेन संपर्क सादचो वा इंडिया पोस्टाचे अधिकृत संकेतथळ www.indiapost.gov.in पळोवचे

योग 90

आंतरराष्ट्रीय योग दिन 2025 च्या पूर्वतयारीचो भाग म्हणून काल  गोयात पणजीतल्या इन्स्टिटयूट ऑफ मेनेझेस ब्रगेंझा सभाघरात  योगाभ्यासा विशी एका खाशेल्या  कार्यक्रमाचे आयोजन केले. केंद्रीय संचार ब्युरो (सीबीसी), पत्र सूचना कार्यालय (पीआयबी), दूरदर्शन आणि आकाशवाणीच्या गोयातल्या पणजी केंद्रान संयुक्तपणान  हा कार्यक्रम आयोजित केलो. या कार्यक्रमाक  आकाशवाणी आणि दूरदर्शन गोयचे उप महासंचालक संदीप श्रीवास्तव, पत्र सूचना कार्यालयाचे संचालक नाना मेश्राम; आणि केंद्रीय संचार ब्युरोचे जनसंपर्क अधिकारी रियास बाबू यांची उपस्थिती लाभली. क्यूसीआय-प्रमाणित योग आचार्य गिरीश परुळेकर हाणी या कार्यक्रमात योगाभ्यासाविशी मार्गदर्शन केले. आणि शारीरिक तसेच मानसिक भलायकी खांतिर लाभदायक आशिल्या खुपशा योगासनांचे प्रात्यक्षिक दाखयले.

हॉकी 70

काल सांजवेळा नेदर्लंडसाच्या ॲम्स्टेलवीन हांगाच्या वॅगनर हॉकी स्टेडियमांर जाल्ले एफआयएच हॉकी प्रो लीग मॅचींत भारतीय पंगड  आर्जेन्टिना आड 1-2 फरकान हारलो. चवथ्या मिणटार पेनल्टी कॉर्नरांतल्यान ड्रॅग फ्लिक करून जुगराज सिंगान भारताक सुरवेक आघाडी मेळोवन दिली. उपरांत णवव्या मिणटार आर्जेन्टिनान रोखडीच बरोबरी केली तेन्ना टॉमस डोमेनान पेनल्टी कॉर्नरांवरवी गोल केलो. निमाण्या क्वार्टरांत आर्जेन्टिनान दबाव वाडयलो आनी 49 व्या मिणटार डोमेनान परतून गोल करून पंगडाक आघाडी दिली. बरोबरी करपा खातीर भारतान खर झुज दिले पुण आर्जेन्टिनाक  जैत मेळलें.

क्रिकेट 60

आयसीसी वर्ल्ड कसोटी चॅम्पियनशिप फायनलींत ऑस्ट्रेलियेन दक्षिण आफ्रिकेचेर 218 धांवड्यांची स्टार्क आनी नॅथन लिऑन ह्यांच्या बळग्यार आघाडी घेवन खेळाचो दुसरो दीस

सोंपयलो. दक्षिण आफ्रिकेचो कागिसो रबाडा आणि लुंगी न्गिडी यांनी प्रत्येकी तीन बळी घेतले.आकाशवाणी ह्या डब्ल्यूटीसी फायनलीचे प्रत्यक्ष धावते वर्णन हिंदी आनी इंग्लीशींत आळीपाळीन दिता,जे इंद्रप्रस्थ आनी हेर चॅनलांचेर दनपारां 2:55 ते 10 वरां मेरेन वा मॅच सोंपसर आयकूंक मेळटा.

हवामान 85

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रात व्हड ते घोंगयानी पावस पडपाचो अदमास काडला. झगलावण्या वांगडा गडगड आनी वराक 60 ते 70 किमी. वेगान वादळी वारे व्हावतले फुडल्या दोन ते तीन दिसांनी ईशान्य राज्यांनी मध्यम ते घोंगयानी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां. मजगतीं, दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी हिमाचल प्रदेशांत उश्णतायेची ल्हार चालूच उरपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 24 वरांत दिल्ली, पंजाब, हरियाणा आनी राजस्थानांतल्या कांय सुवातींनी रातच्या वेळार उश्णताय आसतली असोय अदमास आयएमडीन उक्तायला.